**फुलां पाकळ्यांची वृश्टी करून कोरोना योध्दांक सलाम**

पणजी, 3  मे 2020

जेश्ठ 13, 1942

कोरोना वायरसाची पसरण आडावपा खातीर दोतोर, नर्स आनी भलायकी कर्मचार्यांनी दिल्ल्या निसुवार्थी सेवे खातीर नौदळ आनी तटरक्षक दळाच्या हॅलिकॉप्टरांनी गोंय वैजकी महाविद्यालय, मडगांवच्या ईएसआय हॉस्पिटल आनी चिखलेच्या कुटीर हॉस्पिटलांत फुलां पाकळ्यांची वृश्टी केली आनी मिठाय वांटली. वास्को पुलीस स्थानकाच्या कर्मचार्यांकूय मिठाय वांटली.  ते भायर, नौदळाच्या 1500 दादले आनी बायल कर्मचार्यांनी आयएनएस हंसा वाठारांत एकठांय येवन कोरोना योध्दां खातीर दिनवास दिवपी एक संदेश प्रदर्शीत केलो.

DI/NB/JA/JS/2020/1943